**Aakashvani Panaji National Bulletin 8.40 am 14th December 2025**

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला भारत विकसीत राष्ट्र जावपाचे दिकेन नेटान वता अशें भाजपाचे अध्यक्ष आनी केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री जगत प्रकाश नड्डा हांणी सांगलां. हिमाचल प्रदेशांतल्या शिमला हांगा भाजपाच्या राज्य कार्यालयाच्या बुन्यादी सुवाळ्या उपरांत जाल्ल्या  कार्यावळींत तांणी हें विधान केलें. देशभरांत बांदपाक लागल्यात तीं भाजपाचीं कार्यालयां फकत इमारती न्हय, तर मुल्यां आनी तत्वांचें केंद्र, लोकाचे सेवे खातीर आनी देशाचे उदरगती खातीर वावुरतात अशें तांणी सांगलें. भाजपा हो विचारसरणीचेर आदारिल्लो पक्ष. भाजपान जापसालदारकी आनी बऱ्या प्रशासनाचें राजकारण केलां अशें भाजपा अध्यक्षान सांगलें. केंद्र सरकारान वक्फ मंडळ कायद्यांत दुरुस्ती करून तिगून तलाक रद्द करून मुसलमान समाजाक सुटका दिल्या अशेंय नड्डा हांणी सांगलें. देशभरांत पक्षाचे 14 कोटी वांगडी, 10 लाखां परस चड सक्रीय वांगडी आसात, आनी 6 लाखां परस चड बूथांचेर संघटनात्मक समित्यो तयार केल्यात, जाका लागून भाजपा हो संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो राजकी पक्ष जाला अशें भाजपाच्या मुखेल्यान सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या फुडारपणाखाल भारतांतल्या अर्थीक आनी समाजीक परिवर्तनाचो उल्लेख करून नड्डा हांणी सांगलें, आयज भारत संवसारांतली चवथी व्हड अर्थवेवस्था जाल्या अशे ताणी मुखार सांगले .

---

Anil

बदलत्या वातावरणाक अनुकूल जावपासयात सुसज्ज रावपा खातीर सुदारणांचो आस्पाव करपाक भारतीय संरक्षण दळ बंदील आसा अशें संरक्षण मुखेल जनरल अनिल चौहान हांणी म्हळा.

-----------------------------------------------

Census 139

केंद्रीय मंत्रीमंडळान जनगणना 2027 खातीर 11,718 कोटी रुपयांचें अर्थसंकल्प मान्य केलां.नवी दिल्लींत मिडियाक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी , जनगणना 2027 दोन टप्प्यांनी - पयलो टप्पो आनी दुसरो टप्पो - जातलो.  जनगणना 2027 ही माळेंतली सोळावी आनी स्वातंत्र्या उपरांत 8वी आसतली. 2027 वर्साचे जनगणनेंत देशांतल्या पुराय लोकसंख्येचो आस्पाव जातलो. हे प्रक्रियेंत दरेका घराक भेट दिवप आनी घरांची वळेरी आनी घरां जनगणना आनी लोकसंख्या गणने खातीर वेगळी प्रस्नमाची कॅनव्हास करप हांचो आस्पाव जाता. byte

कोळसो जोडणी धोरण CoalSETU हातूंत सुदारणा करपाक अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन मान्यताय दिल्या अशें मंत्रीमंडळान जाहीर केलें.अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन 2026 हंगामा खातीर कोपरा खातीर उण्यांत उणें आदार किंमत (एमएसपी) खातीरय मान्यताय दिल्या.

-----------------------------------------------

SHAH

नक्सलवादाचो कोणाकूच फायदो जायना अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. छत्तीसगढच्या जगदलपूरांत जावपी बस्तर ऑलिंपिक समारोप सुवाळ्यांत तांणी 31 मार्च 2026 मेरेन नक्सलवाद सोंपवपाचो सरकाराचो संकल्प सांगलो.फुडल्या पांच वर्सांत छत्तीसगडाच्या बस्तार विभागाचें देशांतलो सगळ्यांत विकसीत आदिवासी प्रदेशांत रुपांतर करपाचो निर्णय केंद्रान घेतला अशें तांणी सांगलें.

-----------------------------------------------

Murmu

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज नवी दिल्लींत राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन पुरस्कार 2025 आनी उर्जा संवर्धनाचेर राष्ट्रीय चित्रकला सर्त 2025 च्या जैतिवंतांक राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन दिसा निमतान भोवमान करताल्यो .तशेंच त्यो  ह्या कार्यावळींत मार्गदर्शन करतल्यो .उर्जा संवर्धनाच्या म्हत्वा विशीं जागृताय करपा खातीर आनी उर्जा कार्यक्षमताय मळार राष्ट्राच्या कामगिरीचेर भर दिवपा खातीर दर वर्सा 14 डिसेंबराक राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन दीस मनयतात. उर्जा कार्यक्षमताय ब्युरो, वीज मंत्रालयाच्या मार्गदर्शना खाला ह्या खाशेल्या दिसा उर्जा संवर्धन पुरस्कार दिवन उद्देगीक युनिट, संस्था आनी आस्थापनांक उर्जा वापर उणो करपाच्या यत्नांक मान्यताय दिता आनी प्रोत्साहन दिता. राष्ट्रीय उर्जा संवर्धन पुरस्कार 2025 खातीर वट्ट 680 अर्ज आयल्यात आनी पुरस्कार संरचनेंत 7 व्यापक वर्गां खाला 28 उपक्षेत्रांचो आस्पाव आसा.

-----------------------------------------------

PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां जॉर्डनाचा द्विपक्षीय दौऱ्यायर आसतले. ही भेट दोनूय देशां मदीं राजनयिक संबंद स्थापन जाल्ल्याच्या 75व्या वर्साच्या दिसा घडटा आनी नवी दिल्ली .भारत आनी जॉर्डन हांचे मदीं घटमूट आनी स्थिरपणान वाडपी अर्थीक संबंद आसा आनी भारत हो जॉर्डनाचो तिसरो व्हडलो वेपारी भागीदार म्हूण उदेला. दोनूय देशांमदल्या द्विपक्षीय वेपाराचें मोल सुमार २.८ अब्ज अमेरिकन डॉलर आसा. जॉर्डन भारताक साऱ्यांचो मुखेल पुरवणदार आसा, खास करून फॉस्फेट आनी पोटॅश. भारतीय मूळच्यो सुमार पंदरा कपड्यो कंपनी, जॉर्डनाच्या पात्र उद्देगीक वाठारांनी सुमार 50 कोटी अमेरिकन डॉलर एकठांय गुंतवणूक करतात. जॉर्डनाच्या विस्तारीत मुक्त वेपार कराराचो आनी अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां, युरोप आनी व्यापक अरब वाठाराकडेन केल्ल्या खाशेल्या वेपारी वेवस्थेचो फायदो ह्या कंपनींक जाता आनी संवसारीक बाजारपेठेंत तयार केल्लीं उत्पादनां निर्यात करतात. जॉर्डनांत

भारतीय प्रवाशांक व्हिसा-ऑन-आरिव्हल आनी इलॅक्ट्रॉनीक व्हिसा सुविधा दितात, जाका लागून वेवसाय आनी पर्यटनाक आनीक सोंपेंपण मेळटा.

-----------------------------------------------

Scindia

केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी टपालांक विस्वासाचे पूल अशें वर्णन केलां, जे भारतांतल्या दरेका घरांत फकत पत्रां न्हय, तर बँकिंग, विमो, सरकारी सेवा पावयतात. ग्रामीण भारताक जोडपाक आनी राष्ट्राची उदरगत करपाक त्यांचा म्हत्वाची भूमिकेचे तांणी रेखांकन केले . काल कोल्हापूरांत जाल्ल्या ग्रामीण डाक सेवक सम्मेलनांत गोंय आनी पुणे प्रदेशांतल्या सुमार 6 हजार ग्रामीण डाक सेवक लोकांच्या व्हड मेळाव्याक मार्गदर्शन करतना सिंधियान अशें सांगलें. सुमार 6.5 लाख गांवांक सेवा दिवपी 1.65 लाखां वयर टपाल खात्यां सयत इंडिया पोस्टाचे महत्व उजवाडाक हाडून तांणी खात्याचें रुपांतर आधुनीक रसद आनी सेवा शक्ती केंद्रांत करपाचो उलो मारलो

-----------------------------------------------

**SIR**

SIR सर्वेक्षणाउपरांत आता 1 लाख 78हडार मतदारांची नांवां मसुदो वळेरेतल्यान रद्द केल्यात. जाल्यार एस. आय. आर उपक्रमाअर्तंगत 10.84 लाख मतदारांचे मतदार वळेरीखातरीचे अर्ज एकठाय केल्यात असी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हंणी दिला. byte

-----------------------------------------------

AIIMS

ऑल इंडिया इन्स्टिट्यूट ऑफ मेडिकल सायन्सेस (AIIMS), नवी दिल्ली हांगा सुपरनोवा स्टेंट नांवाच्या नव्या आनी प्रगत स्ट्रोक उपचार उपकरणाची भारताची

पयली क्लिनीकल चांचणी केली. सुपरनोवा देशांतल्या विंगड विंगड दुयेंती लोकसंख्ये खातीर तयार केला, जंय ल्हान दुयेंतींक चड करून स्ट्रोक जातात अशें म्हायती एमसान दिल्या.

-------------------------------------------------

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज कर्नाटक आनी तेलंगनात एकसुरे सुवातेर थंड ल्हारां पातळपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच आसाम ,मेघालय, हरियाणा, चंडीगढ , दिल्ली, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम ,त्रिपुरा, पंजाब आनी उत्तर प्रदेश हांगा दाट धुक्याची परिस्थितीचो अदमास उक्तायला .

-------------------------------------------------

SPORTS

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी दक्षिण आफ्रिका आयज धर्मशाळांत जावपी तिसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय सर्तींत वांटो घेतले .सांजवेळा 7 वरांचेर हिमाचल प्रदेश क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमाचेर ही मॅच सुरू जातली.

-------------------------------------------------